# <u>आर्मां, तुबकां पुलीस स्टेशनार जमा करपाचो आदेश</u>

ता. 03 जानेवारी 2022

उत्तर गोंय जिल्हा न्यायदंडाधिकाऱ्यान उत्तर गोंयच्या खंयच्याय भौशीक थळार, रस्त्यार, पायणीत, गल्लीत, चौकात वा खंयच्याय उकत्या जाग्यार/थळार कसल्याय तरेची तुबकां, आर्मां आनी शस्त्रां व्हरपाक/ बाळगुपाक फुडल्या आदेशामेरेन तत्काळ बंदी लागू केल्या.

उत्तर गोंयातल्या परवानाधारक शस्त्र मालकांनी आपली तुबकां, आर्मां आपल्या लागीच्या संबंदीत पुलीस स्टेशनाचेर जमा करपाचो आदेश दिला. जमा केल्ली शस्त्रां वेंचणूक मतमेजणींच्या पाच दिसां उपरांत म्हणजे वेंचणूक प्रक्रिया पुर्ण जालें उपरांत परत करतले.

खंयच्याय व्यक्तिक वा त्या व्यक्तिच्या मालमत्तेच्या सुरक्षेक धोको आसल्यार पुलीस सुरक्षा दिवपा खातीर तशें पुलीस महासंचालकाक कळोवचे, पुण जिल्हा न्यायदंडाधिकाऱ्याची खास परवानगी वा सूट आसले बगर खंयच्याय व्यक्तिक आर्मां आपल्यालागी बाळगुपाक मेळची ना.

हो निर्बंध कामावयले लोकसेवक, पुलीस, संरक्षण अधिकारी आनी सुरक्षा अधिकारी, भारतीय राष्ट्रीय रायफल संघटनेचे वांगडी आशिल्ले खेळगडें हांका लागू ना, पुण तांचो हिंसा वा कायदो आनी सुवेवस्थेक धोको निर्माण करपाच्या घडणूकांनी आस्पाव आसपाक जायना.

केंद्रीय वेंचणूक आयोग विधानसभा वेंचणूकेची घोशणा करपाची आशिल्ल्या फाटभूंयेर आनी विधानसभा वेंचणूक मेकळया आनी अनुकूल वातावरणात घेवपा खातीर हो आदेश जारी केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/04

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji